आकाशवाणी पणजी
प्रादेशीक खबरांपत्र
१७ मे २०१२
सकाळीं ७.२५
------------------------------

गोंयांत काल १८४ ग्रामपंचायतींचे वेंचणुकेखातीर ८०. १२ टक्के मतदान जालें. आयज सकाळीं आठ वरांचेर बाराय तालुक्यांतल्या २१ मतदान केंद्रांनी ही मतमेजणी सुरू जातली. सगळ्या मतदान केंद्रांचेर कडक पुलीस बंदोबस्त दवरला. सांजे उसरां मेरेन मतमेजणी पुराय जाली ना जाल्यार फाल्यां मतमेजणी प्रक्रिया मुखार चलयतले अशी म्हायती वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी दिली. खूब खेपे एकाद्र्या उमेदवारान फेरमतमेजणी मागली जाल्यार हे प्रक्रियेक कळाव जाता अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलें. तशेंच बरोबरी म्हणल्यार टाय जायत जाल्यार सॉर्त काडून जैतवंत उमेदवार थारायतले.
काल जाल्ल्या एकूण मतदानांत बायलांची टक्केवारी दादल्यां परस चड आसा. सगळ्यांत चड मतदान दिवचल तालुक्यांतल्या पंचायतींनी म्हणजे ९०.४८ टक्के जालें. सगळ्यांत उणें साश्ट तालुक्यांतल्या पंचायतींनी ७०.९२ टक्के मतदान जालें.
पंचायत वेंचणुके वेळार प्रभाग फेररचणूक, आरक्षणा वेळार जाल्लो घोळ हे फाटभुंयेर राज्यांतल्या कांय पंचायत वाठारांनी नाखोशी आनी कांय जाणांनी बहिश्काराची भास वापरून लेगीत मतदारांनी उत्स्फूर्त प्रतिसाद दिलो अशें वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी सांगलें.
------------------------------

गोवा विकास पार्टी काल अधिकृतपणान मुखेलमंत्री मनोहर पर्रीकार हांच्या फुडारपणाखालच्या भारतीय जनता पक्षाच्या आघाडी सरकारान सामील जाल्या.
मुखेलमंत्र्यांनी पणजेंत एका पत्रकार परिशदेंत गोवा विकास पार्टीचे आमदार मिकी पाशेको हांचे उपस्थितीत ही घोशणा केली.

गोवा विकास पक्षान भाजपा सरकारांत सामील जावपाच्या घेतिल्ल्या निर्णयाक लागून भाजपा आघाडी सरकाराचें विधानसभेंतलें संख्याबळ सत्ताविसाचेर पावलां. भाजपाचे वीस, म.गो.प.चे तीन, दोन अपक्ष आनी आतां दोन गोवा
विकास पार्टीचे आमदार मेळून सत्ताधारी आघाडी सरकाराचे एकूण संख्याबळ सत्ताविसाचेर पावलां.
----------------------------

४ जुनाक कुठ्ठाळे विधानसभा मतदारसंघाखातीर जावपा आशिल्ल्या पोट वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज भरपाचो आयज निमाणो दीस आसा. माथानी साल्ढाणा हांकां मरण आयिल्ल्यान कुठ्ठाळे सुवात रीती जाल्ली. तेखातीर ही पोटवेंचणूक घेतात.
भाजपाचे वतीन एलिना साल्डाणा हांणी आदींच उमेदवारी अर्ज भरला. काँग्रेसीचे वतीन रेमंड डिसा आयज आपलो उमेदवारी सादर करतले, अशी म्हायती काँग्रेस पक्ष सुत्रांनी दिली. कुठ्ठाळी मतदारसंघांत २६,६५२ मतदार आसात. वेंचणुकेखातीर ३५ मतदान केंद्रां उबारतले.
-------------------------------

आर्के मडगांवच्या कॉस्ता मैदाना विशीच्या मुद्द्याचेर आयज जावपी एसजीपीडीएचे बसकेंत चर्चा करतले. एसजीपीडीएचें नवें मंडळ घडटकच आमदार राजेंद्र नायक हांच्या मुखेलपणा खाला एसजीपीएडीची आयज जावपी ही पयलीच बसका.
--------------------------------

गोंयच्या शेजरा आशिल्ल्या महाराष्ट्र राज्यांत खणकाम वेवसाय चलता, ते खातीर गोंयच्या पर्यावरण जाणकारानी हुस्को उक्तायला, अशी माहीती खासदार शांताराम नायक हाणीं राज्यसभेंत दिल्या. खासकरून शिमेकडल्या दोडामार्ग आणि सावंतवाडी वाठारांनी चालू आशिल्ल्या खणकामाक लागून पर्यावरण तज्ञांनी भिरांत उप्रासायल्या. हे फाटभुंयेर महाराष्ट्रांतल्या प्रशासनान पर्यावरण राखण कायद्याखाला योग्य ती पावला

उखलची तशेंच उदक प्रदूशण कायदो आनी हेर संबंदीत कायद्या खाला खणकाम कायद्याभायर चलला आसल्यार ताचेर कारवाय करची, अशें ताणीं मागलें. गोंयांतल्या इकरा न्हंयापैकी दोन न्हंयो म्हणजे तेरेखोल आनी कोलवाळे हांचो उगम महाराष्ट्रांत आसा. तेरेखोल न्हय सावंतवाडच्या मनोहर गड सावन सुरू जाता.

--------------------------------

कोंकण रेल्वे महामंडळान गिरायकांच्या सेवेक अती प्राधान्य दिवपाचे थारायलां. तिकेट तपासणी कर्मचाऱ्यांच्या घाळ वागणुकेविशीं प्रवाशाकडल्यान कागाळी आयिल्ल्यो ताका अनुसरून कोंकण रेल्वेन प्रामाणिक आनी प्रभावी पद्धतीन कर्मचाऱ्यानी सेवा दिवची म्हूण तांचेर पाळत दवरपाक अकस्मात तपासणी नेमान सुरू केल्या.

-----------------------------

गोंय टग ऑफ वॉर संघटनेचो तिसरो वर्धापनदीस शेनवारा, १९ तारखेर मनयतले. त्या दिसा सांजे ४ वरांचेर पणजेंतल्या स्वामी विवेकानंद सभाघरांत हो सुवाळो आयोजीत केला. ह्या सुवाळ्याक गोंय ऑलंपीक संघटनेचे अध्यक्ष आनी खासदार श्रीपाद नायक मुखेल सोयरे आसतले. पणजेच्यो महापौर वैदेही नायक मानाच्यो सोयऱ्यो आसतल्यो.

--------------------------------

पावस लागीं पावला तशीं मुरगांव नगरपालिका नितळसाणेच्या वावराकनेटान सुरवात जाल्या.

शारांतलीं गटारां वयल्यो शिमिटाच्यो फातरी काडून तातूंतली माती उसपून पावसाचें उदक व्हांवून वचपा खातीर मेकळीं केल्यात. हीं गटारां नितळ करूंक नाशिल्ल्यान दर वर्सा पावसाचें उदक रस्त्यार भरतालें.

सध्या पालिकेच्या सरभोवतणच्या वाठारांत पालिकेचचे कर्मचारी नितळसाणीच्या वावराक लागल्यात.

पुराय पालिका वाठारांतलीं गटारां निवळ करपाची पालिकेची मोख आसा.